**आकाशवाणी पणजीच्या**

**प्रादेशिक खबरा**

80 Rashmi

पिवपाच्या उदकाचे नवे खाते करपाचो प्रस्तावाक आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत मंजुरी मेळ्ळया.भौशीक बिंधकाम खाते आता फकत रस्तो तशेंच बांधकाम खात्याचे काम पळयतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले. रोटवायलर आनी पीट बुल जातीच्या सुण्यांच्या जातीचेर ह्यानफुडे गोयांत बंदी घालपाचो निर्णय मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला. तशेंच गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांच्या भुरग्यांक शीरवीस दीवपाच्या येवजणेवरवी सध्या 70-80 पात्र उमेदवार शीरवीसीत घेवपाचे उरल्यात,ह्या 6 म्हयन्याभीतर तांका शीरविशेत आसपावन घेवपाचो निर्णय जाल्ल्याची म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

PTI 190

गोंयच्या भोवतेक लोकांक पोर्तुगेज राजवटींत जबरदस्तीन धर्मांतरं करपा पसून रोखपाक छत्रपती शिवाजी महाराजाचो मुखेल वांटो आशिल्लो अशें गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.मुखार उलयतना सावंत हांणी सांगलें,कि शिवाजी महाराज आनी ताचो पूत संभाजी महाराज हां चे राज्य आधुनिक

काळातल्या सरकारांक धडे दिता .गोंयचो खरो इतिहास विद्यार्थ्यांक शिकयना अशें सावंत हांणी सांगलें.
"आमकां सांगतात की पोर्तुगेजांनी गोंयचेर 450 वर्सां राज्य केलें, हें खरें न्हय. तांकां फकत तीन तालुक्यांचेर, सालसेट, बार्देज आनी तिसवाडीचेर 450 वर्सां राज्य करपाक मेळलें, जाल्यार उरिल्लें गोंय तांच्या नियंत्रणा भायर आशिल्लें. तांणी पुराय गोंयचेर फकत 90-100 वर्सां राज्य केलें," अशें सावंत हांणी सांगलें.उरिल्ले गोंय शिवाजी महाराजाच्या राज्याचोच एक भाग आशिल्ल्यान ह्या वाठारांतलीं देवळां सुरक्षीत उरलीं आनी लोकांनी हेर धर्म आपणायलो ना असो दावो मुख्यमंत्र्यान केलो पोर्तुगेजांनी तांणी जिखून घेतिल्ल्या बार्देज तालुक्याच्या रहिवाशांचें धर्मांतर करपाचो आदेश दिलो तेन्ना शिवाजी महाराज लश्करी कारवाय करून लोकांच्या आदाराक आयले अशें सावंत हांणी सांगलें. पोर्तुगेजांनी शिवाजी महाराज हांचे कडेन कबलात करून कोणाकूच धर्मांतर करपाक जबरदस्ती करचे नात अशें उतर दिलें. अशे तरेन धर्मांतर बंद जालें अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.गोंयचो 70 टक्के वाठार "शिवशाही" (शिवाजी महाराजाचो राजवटी) खाला आसा अशें ताणें सांगलें.राज्यांतलें भाजपा सरकार मराठा राज्यकर्त्यांच्या सत्तेंतल्यान प्रेरणा घेता आनी देखून समाजांतल्या दलीत वर्गांक आत्मनिर्भर करपाचेर तांचें लक्ष केंद्रित आसा अशें सावंत हांणी फुडें सांगलें.

100 Rajesh

छत्रपती शिवाजी महाराजांचो आदर्श आमी सदांच नजरेसमोर दवरपाक जाय. शिवाजी महाराजांचे कार्य तरणाट्यांक प्रेरणादायी थारता .तांचो आदर्श नजरेसमोर दवरून कार्य केल्यार जिणेत यश अवश्य मेळटा. आयच्या तरण्याचे पिळगेन तशेच राजकर्त्यांनी छत्रपती शिवाजी महाराजांचो आदर्श नदरे समोर धरून कार्य करपाची गरज आसा. छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जयंतीच्या निमतान आपुण छत्रपती शिवाजी महाराजा योगदानाक याद करता आनि तांचो आदर्श

नदरेसमोर धरून आम्ही सगळ्यांनी कार्य करून जीर्णेंत मुखार वचपाची गरज आसा अशें मत राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. साखळे छत्रपती शिवाजी महाराज चौकात शिवाजी महाराजांच्या फोटोक फुला हार अर्पण केल्या उप्रांत मुख्यमंत्री उलयताले मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत यांच्या मार्गदर्शनाखाला शिवजयंतीची कार्यवळ वडा उमेदिन मनयली.ह्या वेळार साखळी मतदारसंघातल्यान मोटरसायकल रॅली काडली

55 Rashmi

सुर सम्राज्ञी लता मंगेशकर हांचेर आधारीत चित्रांचे 19 वे "चित्र लतीका" हे प्रदर्शन कला अकादमीच्या आर्ट गेलरीत आयोजित केला. मध्य प्रदेश ,जबलपुर हांगचे रामकृपाल नामदेव हांणी लता मंगेशकराची 40 तेल चित्रा ह्या प्रदर्शनात साकारल्यात. 2013 सांवन ते लति मंगेशकर हाची चित्रा काडटात,जाल्यार ह्या चित्रांचे तांणी कलकत्ता,मुंबय,जबलपुर,अहमदाबाद हांगा ह्यानपयली आयोजन केला. गोंयात हे तांचे पयलेच चित्र प्रदर्शन.

75 Subhash

आजसावन फोंड्या राजीव गांधी कला मंदिरात कला अकादमीची ४९ वी कोंकणी नाटक सर्त सुरू जातली. ओंदू ह्या सर्तीत गोयातल्या २० नाट्य संस्थांनी वांटो घेतला. २० मार्च मेरेन ही सर्त चलतली. दर दिसा सांजे ७.०० वरांचेर नाटक सुरू जातले. मोर्ले - सत्तरीच्या सातेरी कलामंचाच्या ' फूक्या सवाय ' नाटकांन ह्या सर्तीची सुरवात जातली तर २० मार्चाक सादर जावपी वाळपयच्या कला अविष्कार संस्थेच्या ' साद अंतर मनाचा ' ह्या नाटकान कला अकादमीच्या ४९ व्या कोंकणी नाट्य सर्तीचो समारोप जातलो.

NSD150

रेखा गुप्ता ही दिल्लीची नवी मुख्यमंत्री जातली. बुधवारा सांजवेळा नवी दिल्लींत दिल्ली भाजपा विधीमंडळ पक्षाचे बसके उपरांत हें नांव जाहीर जालें. उपरांत रेखा गुप्ता हांणी दिल्लीचे उपराज्यपाल व्ही.के. सक्सेना हांची भेट घेतली आणि नवीन सरकार स्थापनेचाचो दावो केलो.हालींच दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत तांणी शालीमार बागची सुवात जिखली. तांणी 1992 वर्सा दिल्ली विद्यापिठाच्या दौलत राम कॉलेजींतल्यान एबीव्हीपी वरवीं राजकी प्रवास सुरू केलो. ती दिल्ली विद्यापीठ विद्यार्थी संघटने अध्यक्ष जाली. रेखा गुप्तान दिल्लींतल्या भाजपा महिला मोर्चाची सरचिटणीस म्हणूनय काम केलां.

आज प्रतिश्ठीत रामलीला मैदानांर ती मुख्यमंत्री म्हूण सोपूत घेतली. उपराज्यपाल दनपारां 12:35 वरांचेर पद आनी गोपनीयतेची सोपूत दितले. सोपूत घेवपाच्या सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, गृहमंत्री अमित शाह आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी हेर लोक हाजीर रावपाची अपेक्षा आसा. सुमार 20 राज्यांचे मुख्यमंत्री आनी उप मुख्यमंत्र्यांकय ह्या कार्यावळीक आमंत्रित केल्यात.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें सांजेच्या ७. २० मिनिटांचेर नमस्कार